# पोशण मास कार्यक्रमाचो समारोप

ता. 4 ऑक्टोबर 2021

बायलां आनी भुरगीं उदरगत संचालनालयांन सप्टेंबर म्हयनो पोशण मास म्हुण मनयलो. पोशण मासानिमतान संचालनालयांन साबार कार्यक्रमांचे आयोजन केले. पोशण मासाचो समारोप कार्यक्रम 29 सप्टेंबराक जालो. ताळगांवच्या समाज सभाघरांत जाल्ल्या समारोप कार्यक्रमाक बायलां आनी भुरगीं उदरगत मंत्री श्री. विश्वजित राणे मुखेल सोयरे म्हुण हाजिर आशिल्ले.

सुरवातीक मंत्र्यान गेरा इम्पोरियम ते ताळगांवच्या समाज सभाघरां मेरेन आयोजीत केल्ल्या पोशण मास मोटरसायकल रॅलीची बावटो दाखोवन सुरवात केली. ह्या रॅलीत गुरवार बायलो, दुद पाजपी माता, भुरगीं आनी युवा पिरायेच्यो चलयो मेळून समार 500 जाणांनी भाग घेतलो.

कार्यक्रमात गोंयच्यो 108 पारंपारिक पुश्टीक पाककृती प्रदर्शित केल्ल्यो. गोंयच्या ह्या पाककृतींचे म्हत्त्व आनी फायदे पटोवन दिवपा खातीर हे प्रदर्शन आयोजीत केल्ले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/822

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji